आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 15/03/2025

6.30 PM

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज आसामाच्या गोलाघाट जिल्ह्यांतल्या डेरगांवात अत्याधुनीक लचित बारफुकन पुलीस अकादेमीचें उक्तावण केलें आनी पुलीस अकादेमीच्या निवासी प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. आसामाची नेटान उदरगत जाता आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला राज्यांत परतून शांतताय आयल्या अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री मोदीच्या यत्नांक लागून राज्यांतल्या दहशतवादी गटांनी शांतताय उलोवपांत वांटो घेतला आनी जायते गट शरण आयल्यात अशें ताणी मुखार सांगलें. राज्यांतलो हिंसाचार उणो जल्या कारणान  वेवसायात वाड जवान तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळटा. केंद्र सरकार राज्यातल्या  प्रकल्पां खातीर 3 लाख कोटी रुपया दितलें, जाका लागून मुळाव्या साधनसुविधा क्षेत्राक बळगें मेळटलें अशें तांणी म्हळा . फाटल्या दशकांत राज्यांतली कायदो आनी सुवेवस्था सुदारला आनी गुन्यांवांचे प्रमाण 50 टक्क्यांनी  उणें जालां अशें आसामाचे मुख्यमंत्री हेमंत विश्व सरमा हाणी  सांगलें, ह्या अत्याधुनीक पुलीस अकादेमी वरवीं देशात बरे पुलीस कर्मचारी तयार जातले अशें केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी ह्यावेळार सांगलें.

तामिळनाडूतल्या श्रीपेरुम्बुदूर आनी मनालूरात 1हजार 112 कोटी रुपया खर्चन दोन इलॅक्ट्रॉनीक उद्देग स्थापन करतले अशें केंद्रीय दूरसंचार, आनी रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. श्रीपेरुम्बुदुरात आयज जेटवर्क इलॅक्ट्रॉनिक्स केंद्राचें उक्तावण केल्या उपरांत अमृत येवजणे खाला 77 रेल्वे स्टेशनांचें नवनिर्माण करतले अशी म्हायती तांणी दिली. तमिळनाडूंत 715 रेल्वे ओव्हरब्रिज बांदपाचें काम सुरू आसा आनी आठ वंदे भारत गाडयो चलतात अशें तांणी सांगलें. भारत हो संवसारांतलो दुसरो व्हड इलॅक्ट्रॉनिक्स निर्यात करपी देश आसा तेखातीर राज्य सरकारान दिल्ल्या सहकार्याची ताणी तोखणाय केली .सांजे ते   आयआयटी मद्रास कॅम्पसाक भेट दितल.

गिरायकांक फटीच्या म्हायती सावन सरक्षण मेळचेखातीर पुरायपणान जागृताय करपाक सरकार बांदिल आसा अशें गिरायक वेव्हार मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें. संवसारीक गिरायक हक्क दिसा निमतान आयोजित केल्या कार्यावळीत राष्ट्रीय गिरायक हेल्प लायन(एनसीएच) खऱ्या अर्थान भारतांत गिरायक सशक्तीकरणा खातीर उपेगी थारला आशे व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं सांगले. सरकारान गिरायक सशक्तीकरणाचेर लक्ष केंद्रीत करून तक्रार निवारण यंत्रणेचें आधुनीकीकरण केलां हांचेर ताणी भर दिलो. सरकार फकत गिरायक संरक्षणाचेर न्हय तर गिरायक समृध्दीचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें तांणी फुडें सांगलें.

ब्रिटनांतल्या सेंट्रल बँकिंग डिजिटल ट्रान्सफॉर्मेशन2025 पुरस्काराखातीर भारतीय रिझर्व्ह बँकेची निवड केल्या. हे बँकेक प्रवाह आनी सारथी ह्या डिजिटल उपक्रमांखातीर हो पुरस्कार फावो जाला .ह्या डिजिटल उपक्रमांक लागून कागदाचो वापर उणो जाला अशें पुरस्कार समितीन सांगलां.

प्रजासत्ताक दिसा निमित्त जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-२०२६ खातीर नामांकना स्वीकारपाक १५ मार्च २०२५ पासून सुरू जाला. पद्म पुरस्कारां खातीर नामांकना फक्त पोर्टलार ऑनलाइन मेळटली. पद्म विभूषण, पद्म भूषण आणि पद्मश्री, हे देशातल्या सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी एक आसात. १९५४ त स्थापन जाल्ले हे पुरस्कार दरवर्सा प्रजासत्ताक दिसानिमित्त जाहीर करतात. हो पुरस्कार 'विशिष्ट कार्य' वळखुपाचो प्रयत्न करता आणि कला, साहित्य आणि शिक्षण, खेळ, वैचकी, सामाजिक कार्य, विज्ञान आणि अभियांत्रिकी, सार्वजनिक व्यवहार, नागरी सेवा, व्यापार आणि उद्योग अशा सगळ्या क्षेत्रांत विशिष्ट आणि अपवादात्मक कामगिरीखातीर दितात.

वेव्हज् म्हळयार संवसरीक ऑडिओ व्हिज्युअल आनी मनरीजवण शिखर परिषद १ मे ते ४ मजगती मुंबईत जातली. ते फाटभूयेर मीडिया आणि मनरीजवण (M&E) क्षेत्रात जागतिक सहकार्य वाढोवपाच्या एका व्हड उपक्रमात, सरकारान WAVES 2025 चेर एक उच्चस्तरीय सत्र आयोजित केले . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या नेतृत्वाखाला भारतान मीडिया आणि मनरीजवण क्षेत्रात आपली ओळख निर्माण केल्या. ह्या यत्नांचो एक भाग म्हणून वेव्हज2025चे आयोजन केला.

भारतीय अंतराळ संशोधन संघटनेन एलव्हीएम-थ्री प्रक्षेपणयानाच्या सव्या मोहिमे खातीर एलव्हीएम-एम सिक्साच्या क्रायोजेनिक इंजिनाची उड्डाण चांचणी येसस्वीपणान पुराय केल्या. इसरोन तमिळनाडूच्या महेंद्रगिरीतल्या  प्रोपल्शन कॉम्प्लेक्सांत ही चांचणी केल्ली. दर एका मोहिमेचे क्रायोजेनिक इंजिनाच्या उड्डाणा खातीर मान्यताय दिवपाच्या प्रक्रियेचो एक भाग म्हूण ही चांचणी जाता अशें इसरोन एका निवेदनांत म्हणलां.

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया फाल्यां नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल स्टेडियमांत फिट इंडिया कार्निवालाचें उक्तावण करतले . फिट इंडिया चळवळीचे नंदरेन भलायकेन सक्रिय जिणे पद्दतीक चालना दिवप, हो ह्या तीन दिसांच्या फिटनेस महोत्सवाचो हेतू आसा . तातूंत साबर  खेळां कार्यावळींचो आस्पाव जातलो. तशेंच ह्या उक्तावण सुवाळ्यांत युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा खडसे आनी बॉलिवूड अभिनेतो आयुष्मान खुराना हाजीर आसतले. ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक सुरू जावपी खेळो इंडिया पॅरा गेम्साच्या  लोगो आनी एंथमय उक्तावण ह्या वेळार  करतले.

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत  आयज सांजे आठ  वरांचेर मुंबयच्या ब्रबोर्न मैदानार मुंबय इंडियन्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स पंगडामदीं खेळ जातलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार